आकाशवाणी पणजी

**14 .03.2025**

**7.20 pm**

1 होळी हो रंगांचो उत्सव आयज देशभर पारंपारीक उमेदीन आनी खोशन मनयतात.

2 भलायकी मंत्री विश्वजित राणे हाणी गोवा वैजकीय हॉस्पिटलाच्या PNRC आनी NICU क अचकीत तपासणी भेट दिली आनी जतनाय आनी सुविधांच्या दर्ज्याचें मुल्यांकन केलें.

3 शेनवारा जावपाची आशिल्ली बारावी परिक्षा थारायिल्ले प्रमाण जातली अशें केंद्रीय माध्यमीक शिक्षण मंडळ CBSEन सांगलां

4 लावडस्पीकर लावपाचे आसल्यार पर्यावरण आनी हवामान बदल संचालनालयान शुल्क निश्चित करपी अधिसुचोवणी जारी केल्या.

--------------

गणेश

होळी हो रंगांचो उत्सव आयज देशभर पारंपारीक उमेदीन आनी खोशन मनयतात. हो उत्सव वसंत ऋतूचो आगमन, वायटाचेर बऱ्याचे जैत आनी एकचार आनी भावपणाची भावना वाडयता. जात, पंथ, पिराय आनी लिंग हांच्या मर्यादहुपून लोकांक एकठांय हाडून एकचार, समता आनी भावपणाची भावन ना मनयता. होलीच्या एक दीस आदीं मनयतात त्या होलिका दहनान ही परब सुरू जाली, जी धर्माच्या जैताचें प्रतीक आसा.

पणजेकारांनी पणजे महालक्ष्मी देवळांत दर्शन घेतले उपरांत व्हडा उमेदीन आझाद मैदानाचेर एकामेकांक रंग लायत रंगपंचम मनयली. ल्हान ते जाण्टे तशेंच राजकारणी राजकारण विसरून उमेदीन हे रंगपंचमींत वांटेकार जाले. बिरेस्तारा सांजे वेळार होळी दहन केले  उपरांत गोंयच्या वेगवेगळ्या वाठारांनी रंगपंचम मनयली. पणजी शिगमोत्सव समितीन पणजे आझाद मैदानाचेर रंगोत्सव घडोवन हाडिल्लो. मनरिजवणेच्यो वेगवेगळ्या कार्यावळी ह्या वेळार घडोवन हाडल्यो.

हे कार्यावळींत खासदार सदानंद शेट तानावडे, भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामु नायक, महापौर रोहित मोन्सेरात, उत्पल पर्रिकार, उद्देजक श्रीनिवास धेंपो हांणी हेर नागरिकां सयत वांटेकार जावन एकामेकांक रंग लायलो. पणजी शिगमोत्सव समिती शिगम्या निमतान चार दीस शिगम्याचे मिरवणुके सयत हेर मनरिजवणेच्यो कार्यावळी आझाद मैदानाचेर घडोवन हाडटले

मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांखळे मतदारां वांगडा रंगपंचम मनयली. रंगपंचम खेळटना चडांत चड सेंद्रीय रंग वापरचो असो उलो तांणी मारलो. गोंयांत फुडले आठ दीस शिगमो चलतलो।  रंग लायतना तो दोळ्यांत, कानांत, नाकांत, तोंडांत वचचो न्हय, ताचे वायट परिणाम कोणाक जावचे न्हय हाची जतनाय घेवची. तशेंच शक्य आसा तितले सेंद्रीय रंग वापरचे. जाका लागून कोणाकच त्रास जावचो ना आनी सगल्यांनी ही उमेद वाटून घेवची, असो उलो मुखेलमंत्र्यांनी मारला.

होळीचो उत्सव फकत रंग आनी गुजिया पुरतो मर्यादीत ना. हो उत्सव देशांतल्या वेगवेगळ्या राज्यांनी वेगवेगळ्या नांवां आनी वेगवेगळ्या परंपरेन मनयतात. ह्या उत्सवांत कांय लोक लठ्ठमार होळी खेळतात, जाल्यार कांय लोक लोकगीतां गावन खादी होळी मनयतात. उत्तर प्रदेशांतल्या नंदगांवांतले लोक भगवान श्रीकृष्ण आनी गोपाळांचो भेस करून होळी खेळपाक बरसाणाक येतात, थंय गांवच्यो बायलो तांकां बडयो मारतात. मध्य प्रदेशांत  रंग गुलाल एकामेकांक लावून होळी  मनयतात. उत्तराखंडांत लोक पारंपारीक वेशभूशेंत देवळां आनी भौशीक थळांक भेट देतात आनी लोकगीतां गायतात. हाका बैठाकी होळी म्हण्टात.

सुशांत

गोयात सगळीकडेन होळी दहनाचे विधी जातात मात प्रत्येक जाग्याच्यो प्रथा वेगवेगळ्यो असतात. केपे लागसार आशिल्या मळकर्णे गावातीली शेणी उजो हीय एक अशीच आगळी वेगळी परंपरा असून काल राती असंख्य भाविकांच्या उपस्थितीत हो उत्सव मनयलो.

मळकर्णे गावात मनोवपी 'शेणी उजो' एक आकर्षक होळी विधी म्हणून फामाद आसा. मळकर्णे हांगा होळी उत्सवाचो एक भाग म्हणून, स्थानिक लोक या विधीत सहभागी जावपाक एकठाय येतात. हो उत्सव देवळाच्या परिसरात जाता. थय सुकील्ल्या शेणाच्या शेणयांची व्हड रास

मेकळ्या जागेत जाळतात. ह्या उत्सवात भाग घेवपी भाविक देवळाच्या आवारात उभ्यो केल्ल्या तीन सुपारेच्या माडयां भोवती फेर धरतात आनी यावेळी हेर भाविक जळत्यो शेणयो तांचेर शेवटून मारतात. होळयेच्या आदल्या राती हो उत्सव जाता.

काल रात्री हो उत्सव संपन्न जालो. गावातले लोक भक्तीभावान सहभागी जाल्ले.

संतोष

वास्कोच्या दामोदर देवळा भायर रंगाची उधळण करून शिगमो व्हडा उमेदीन मनयलो. केरळाचे राज्यपाल राजेंद्र आर्लेकार, मंत्री माविन गुदीनो, आमदार संकल्प आमोणकार, मुरगांव नागरिक शिगमोत्सव समितीचे मुखेली आमदार दाजी साळकार आनी व्हडा संख्येन जमिल्ल्या नागरिकांच्या उपस्थितीन वास्कोचें ग्राम दैवत दामोदर देवाक गाऱ्हाणें घालून जाल्या उपरान्त रंगाची उधळण जाली. उपरान्त शारात मिरवणूक काढून शिगमो मनयलो.

CBSE

देशांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांनी होळी उत्सव आसले तरी शेनवारा जावपाची आशिल्ली बारावी परिक्षा थारायिल्ले प्रमाण जातली अशें केंद्रीय माध्यमीक शिक्षण

मंडळ CBSEन सांगलां. हिंदी कोर आनी हिंदी ऐच्छिक विशयांची बारावी परिक्षा थारायिल्ल्या तारखेक जातली अशें मंडळान निवेदनांत सांगलां. तशेंच 15 मार्चाक परिक्षेक हाजीर रावंक शकनाशिल्ल्या विद्‍याथ्यांक राष्ट्रीय वा आंतरराष्ट्रीय पांवड्यावेल्या खेळां सर्तींनी वांटो घेवपी विद्‍यार्थ्यां खातीर आयोजीत केल्ले खाशेले परिक्षेंत हाजीर रावपाची संद दितले अशें तातूंत म्हणलां.

सुभाष

'कृष्णातीरीचा कीर्तनसूर्य ह.भ.प. दत्तदास घागबुवा ' ह्या पुस्तकाचे प्रकाशन फाल्यां बोरयेच्या नवदुर्गा संस्थान सभाघरांत जातलें. गोवा मराठी अकादमीच्या फोंडा प्रभागान हो प्रकाशन सुवाळो घडोवन हाडला. गोंयातल्या कीर्तन भक्ती परंपरेत सर्गेस्त ह.भ.प. दत्तदासबुवा घाग हांचे व्हड योगदान आसा. तांचे जीवन, विचार आनी कार्याचो नियाळ घेवपी ह्या पुस्तकाचे संपादन म्हणशेंचे कलाकार आनी लेखक दीपक मणेरीकर हांणी केलां. करवीर पीठाधिश श्रीमद् जगद्‍गुरू शंकराचार्य हांच्या हस्तुकी पुस्तकाचो विमोचन सुवाळो जातलो. दत्तदास घागबुवांचे पूत शरदबुवा घाग हे मानाचे सोयरे आसतले. हेर मानेस्तांमदी डॉ. शिरीष बोरकर , प्रा. अनिल सामंत , सचिन सावकार , लेखक दीपक मणेरीकर हाजीर रावतले अशें गोवा मराठी अकादमीचे फोंडा प्रभाग मुखेली निलेश नाईक हांणी कळीत केलां.

मनाली

भलायकी मंत्री विश्वजित राणे हाणी गोवा वैजकीय हॉस्पिटलाच्या PNRC आनी NICU क अचकीत तपासणी भेट दिली आनी जतनाय आनी सुविधांच्या दर्ज्याचें मुल्यांकन केलें. तशेंच बालरोगविज्ञान विभागांतल्या नवजात शिशु अतिदक्षता विभाग NICU क भेट दिवन आव्हानां समजून घेवपाक दोतोरां कडेन संवाद सादलो. भुरग्यां खातीर न्यूरोरिहॅबिलिटेशन सेवा वाडोवपा खातीर PNRC ची  सुदारणा करपाची येवजण सुरू आसा अशी म्हायती राणे हांणी भेटी उपरांत दिली.

गणेश

लावडस्पीकर लावपाचे आसल्यार कार्यावळीच्या सप्तका आदीं खाजगी कार्यावळी खातीर 3 ते 5 हजार रुपया परवानो शुल्क भरचें पडटलें. पर्यावरण आनी हवामान बदल संचालनालयान शुल्क निश्चित करपी अधिसुचोवणी जारी केल्या. वेवसायीक कार्यावळी खातीर एक सप्तका आदींच ऑनलायन अर्ज केल्यार 15 ते 21 हजार रुपया मेरेन शुल्क भरचें पडटलें. सरकारी, धर्मीक, पारंपरीक आनी खेळां कार्यावळीतल्या लाउडस्पीकरां खातीर शुल्क घेवचे नात.खाजगी कार्यावळीं खातीर 7 दीस आदीं अर्ज केल्यार 3 हजार रुपया, आनी 3 ते 7 दीस आदीं 4 हजार रुपया जाल्यार कार्यावळीच्या 3 दीस आदीं 5 हजार रुपया शुल्क आकारतले. वेवसायीक कार्यावळी खातीर 7 दीस आदीं अर्ज केल्यार 15 हजार रुपया शुल्क भरचें पडटलें. 3 ते 7 दिसां मदीं 18 हजार रुपया आनी 3 दीस आदीं अर्ज केल्यार 21 हजार रुपया शुल्क भरचें पडटलें. बार, रेस्टॉरंट, क्लब आनी हेरांनी 3 वर्सां मेरेन संगीत/ लावडस्पीकराचे परवाने घेतल्यात तांकां हे दर लागू जावचे नात.

तापमान

पणजीत नोंद जाल्ले तापमान कमाल 35.4 किमान 26 डिग्री सेलसीयस हवेतली आर्द्रता 73 % हवामान सुके आसतले आनी तापमान 34 ते 38 डिगरी सेलसीयस आसू येता आणि सकाळी काय प्रमाणात धुके पातळू येता असो अदमास वेधशाळेन उक्तायला

Mahesh

थळावे हितसंबंद आनी पर्यावरणाची राखण करपाचेर लक्ष केंद्रीत करून गोंय सयत देशभर खणकाम सुलभ करपाक भारत सरकार वावुरता. खणकामाचो परिणाम जाल्ल्या वाठारांनी उदरनिर्वाहाची संद दिवप आनी जिणेचो दर्जो सुदारप सयत

टिकावू खण पद्दतींक चालना दिवप हो ह्या यत्नांत आसा.आशे केंद्रीय खण मंत्री जी. किशन रेड्डी हांणी आयज सांखळींतल्या वर्डी हांगाच्या वेदांत खण स्थळाक आनी सुर्ला खण स्थळाक राज्यसभा वांगडी सदानंद शेत तनावाडे हांचे वांगडा भेट दिली तेंना पत्राकरांक सांगले अर्थीक वाड आनी पर्यावरण संरक्षण हांचे मदीं समतोल दवरप हो सरकाराचो हेत आसा अशें तांणी सांगलें.

आकाशवाणी पणजी तातपुरत्या कराराचेर कोंकणी निवेदक पदाखतीर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयता. शिक्षणीक पात्रताय :: पदवी मेरेनचें शिक्षण.पिराय :: FM Rainbow खातीर 21 ते 40 वर्सा कोंकणी वांगडा मराठी भाशेचें गिन्यान गरजेचें. अर्जा वांगडा शिक्षणीक दाखले तशेंच आधार कार्ड पॅन कार्ड आणी फोटो जोडचो .कामाच्या दिसांनी 11 ते 1 वरां मजगती पुराय भरिल्ले अर्ज आनि परीक्षे खातीरची फी घेवन आकाशवाणी पणजी आल्तीन पणजे हांगा दिवचे. अर्ज धाडपाची निमणी तारीक:: 17 मार्च 2025 आसा.

आनी इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपलयो. यांचे मुखवेल्यो प्रादेशिक खबरो तुमका एकूनक मेळतल्यो फाल्या सकाळी सात वरा **25** मिनिटांचेर नमस्कार